# <u>प्लाझ्मा दिवप्प्यांखातीर आयज मिरामार तपासणी शिबीर जाले</u>

ता. 18 सप्टेंबर 2020

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या सहकार्यान आयज मिरामार रेजिडन्सीत उत्तर गोंयांतल्या प्लाझ्मा दात्यांखातीर अर्द दिसाचे तपासणी शिबीर आयोजीत केल्ले. ह्या शिबीरांत कोरोना दुयेंसातल्यान बरे जाल्ल्या 13 जाणांची प्लाझ्मा दिवपा खातीर तपासणी केली.

प्लाझ्मा दिवप्प्यांखातीर उत्तर गोंयांत अशा तरेन पयलेच फावट शिबीर आयोजीत करपात येता आनी अशा शिबीरातल्यान प्लाझ्मा दात्यांमदी आत्मविस्वास वाडपाक मदत जातली, अशें उपजिल्हाधिकारी श्री. गुरूदास देसाय हांणी शिबाराविशीं म्हायती दितना सांगले आनी कोरोनातल्यान बरे जाल्ल्या लोकांनी प्लाझ्मा दान करून दुसऱ्याचो जीव वाटोवपाचो उलो मारलो.

गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या ब्लड बँकेचे दोतोर डॉ. सचीन पालयेकर हांणी सांगले, प्लाझ्मा दिवपा पयली दात्याची भलायकी आनी एण्टीबॉडीजची तपासणी करतात. ताच्या कुडीतल्या रक्ताची आनी एण्टीबॉडीजची मात्रा योग्य आसल्यार प्लाझ्मा दान करपाक जाता. दात्याच्या रक्ताचो नमुनो घेतले उपरांत तपासणी करतात आनी दातो प्लाझ्मा दान करपाच्या निकशात बसता जाल्यार ताका प्लाझ्मा दान करपाक आपयतात. प्लाझ्मा दान करपी व्यक्तिक कसलीच अशक्तताय येना त्या खातीर दात्यांनी कसलीच भिरांत बाळगीनासतना प्लाझ्मा दानाखातीर फुडे येवचे आनी दुसऱ्याचो जीव वाचोवचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/476

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA